**<u>राष्ट्रीय गिरायक हक्क दीस मनयलो</u>**

ता. 24 डिसेंबर 2019

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान आयज पाटो-पणजी हांगाच्या संस्कृती भवनातल्या बहुउद्‌देशीय सभाघरात आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात “राष्ट्रीय गिरायक हक्क दीस” मनयलो. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार मंत्री श्री. गोविंद गावडे कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आशिल्ले. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार सचीव श्रीमती ईशा खोसला कार्यक्रमाक मानाच्यो सोयऱ्यो आशिल्ल्यो.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गावडे हांणी सांगले, प्रत्येक मनीस हो गिरायक आसता आनी त्या खातीर आपली फसवणुक जावची न्हय म्हुण प्रत्येकान जागरूक रावपाची गरज आसा. जो मनीस दुसऱ्याक फटयता तो आशेचो आसता. ताका दुसऱ्याचे पडून गेल्ले नासता. ताका दुसऱ्याक फटोवन पयशें करपाचे आसता. ही वृत्ती ना करपा खातीर प्रत्येकान सकारात्मक आसपाक जाय आनी तशें केल्ल्यान गिरायकांची फसवणुक जावची ना. तशेंक गिराकांक आपल्या हक्कांविशीं जाणीव आसपाक जाय. गिरायकांनी गुंतवणुक करतना सादुरकाय बाळगुपाक जाय. लोकांमदी गिरायक हक्कांविशीं जागृताय करपा खातीर खात्यावतीन साबार कार्यावळीं आयोजीत करपात येता, अशेंय मंत्र्यानी सांगले.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तूकीं डिजिटल वेवस्था सुरू केल्ल्या सवाय धान्य दुकान मालकांचो सत्कार जालो.

सुरवातीक खात्याचे संचालक श्री. सगुण वेळीप हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. गोविंद भगत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. पालवी संचालक श्रीमती विरा नाईक हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/878

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA